# कुडचड्यार कार्नावाल चित्ररथ मिरवणूक जाली

ता. 28 फेब्रुवारी 2017

कुडचड्यार सोमारा दिसा कार्नावाल चित्ररथ मिरवणूक जाली. कार्नावाल चित्ररथ मिरवणूक पळोवपाक शेकड्यांनी लोक हजर आशिल्ले. चित्ररथ मिरवणूक रेल्वे स्टेशनाकडेन सूरू जावन कदंबा बसस्टॅण्डार समारोप जालो.

कुडचडे-काकोडा नगरपालिका मंडळान गोंय पर्यटन विभागाच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या चित्ररथ मिरवणूकेक दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. रॉन्फॉन पेरेरा, केपेचे उपजिल्होधिकारी श्री. प्रशांत शिरोडकर, धारबांदोडाचे उपजिल्हाधिकारी श्री. आग्नेल फर्नांडिस, केपेचे मामलेदार श्री. प्रतापराव गावकार आनी कुडचडे-काकोडा नगरपालिकेचे मुख्याधिकारी श्री. सगूण वेळीप हांचे उपस्थितीत सुरवात जाली.

किंग मोमो बॉबी डिसिल्वाच्या चित्ररथाच्या फुडारपणाखाला सुरू जाल्ल्या मिरवणूकीत गोंयची परंपरा, संस्कृती आनी लोकहित संदेश दिवपी 51 चित्ररथांनी भाग घेतलेलो. तशेंच विंगड विंगड वेशभूशा केल्ल्या कलाकारांनीय लोकांचे मनोरंजन केले.